संसदेचें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन आयज सुरू जातलें आनी आयज सकाळीं दोनूय सभाघरांच्या संयुक्त बसकेंत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू मार्गदर्शन करतल्यो . राष्ट्रपतीच्या मार्गदर्शना उपरांत केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण लोकसभा आनी राज्यसभेच्या अधिवेशनांत अर्थीक सर्वेक्षण सादर करतल्यो . अर्थीक सर्वेक्षण सादर करतकच संसदेंत अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाची अधिकृत सुरवात जातली . फाल्यां अर्थमंत्री निरामला सीतारामन केंद्रीय अर्थसंकल्प सादर करतल्यो . वित्त विधेयक 2025, वक्फ (दुरुस्ती) विधेयक- 2024 देशांतर आनी विदेशी नागरिक विधेयक- 2025, बँकींग कायदे (दुरुस्ती) विधेयक- 2024 आनी रेल्वे (दुरुस्ती) विधेयक- 2024 सयत 16 विधेयकांचेर चर्चा जातली.

आठवी यत्ता पास जांवन आय.टी. आय करपी विद्‌यार्थ्यांक धावी यत्ता पास जाल्याचो दर्जो ह्यानफुडे मेळटलो, तशेंच अशा विद्‌यार्थ्यांक सरकारी खात्यांनी एम.टी.एस पदाखातीर पात्र उमेदवार म्हण शिरीवेशक अर्ज करपाक मेळटले. तशेंच धावी पास जावन दोन वर्सा आय.टी.आय करपी विद्‌यार्थ्यांक बारावी यत्ता पास जावपा इतको दर्जो मेळटलो. हे विंशी सरकार काय दिसांनी परीपत्रक काडुन संबंधित औपचारीकता पुराय करतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री तशेंच शिक्षण मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. टाटा टेक्नोलोजिसच्या जोडपालवान बिचोली, म्हापसा, वास्को, काकोडा, तशेंच फार्मागुडीच्या आय.टी.आय चे नुतनीकरणाच्या कामाचो बुनयादी फातर वच्युअॅल पदध्तीन बसोवपाची कार्यावळ आयज पणजे आय.टी.आय केंदात जाली. त्यावेळार ते मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. एप्रेन्टेशिप दिवन गोंयाच्या वेगवेगळ्या सरकारी खात्यांनी कितल्यास्याच जमांक रोजगार मेळाळा. हाका लागुन तांका कामाचो अणभव लेगीत मेळ्ळा आनी एक कामाचो एक बरो मनीसबळ तयार जाला अशें मुखेलमंत्र्यान म्हणला. आय.टी.आय अभ्यासक्रम पुराय करपी विद्‌यार्थायांक ह्यानफुडे जागतिक पावंड्‌याचेर नोकरीची संद मेळची म्हण गोंय सरकारान बी.वी. जी ह्या कंपनीकडे कबलात केला अशीय म्हायती मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार दिल्या. सुमार 200 कोटी रुपया खर्च करुन पाच आय.टी.आय केंद्रांचे नुतनीकरण केला. टाटा समुहान हाचेखातीर 168 कोटी रुपयाची अर्थिक मजत केला अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या.

गोंयच्या उदका संसाधन सचीव खात्यान 27 जानेवारीक अमथाने धरणाचेर भारतीय नौदलाक डायविंग मजत मागली . गोंयांतल्या नौदलाच्या क्लियरन्स डायविंग युनिटाच्या पंगडान उदका पुरवण परतून मेळोवपाक उपाय सोदून काडपा खातीर सर्वेक्षण डायविंग केलें . 28 जानेवारीक सावन ह्या पंगडान 29 जानेवारीक स्लूइस गेट उखलपाक आनी उत्तर गोंयांत उदका पुरवण परतून मेळोवपा खातीर तांणी प्रयत्न केले .ह्या पंगडान नौदलाची उंचेली परंपरा पाळून आव्हानात्मक परिस्थितींत दीस आनी रात एक करून काम केलें.

---

नवे शिक्षणीक वर्स 2026-27 पसून दोन वर्सांचो M.Ed (Master of Education) अभ्यासक्रम आतां एका वर्सांचो जातलो. राष्ट्रीय शिक्षक शिक्षण परिषदेन (NCTE) हो निर्णय घेतला. एनसीटीईच्या निर्णया उपरांत बी.एड लेगीत एक वर्स जातलें अशें जाहीर जालें. हो निर्णय राष्ट्रीय शिक्षण धोरण 2020 खाला घेतला.

10 वर्सां उपरांत बी.एड अभ्यासक्रमांत बदल जाला. बी.एड अभ्यासक्रम 2014 मेरेन एक वर्साचो आशिल्लो, पूण आतां तो परतून सुरू जातलो.

---

राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाच्या (एनईपी) कार्यवाही खातीर नवें शिक्षणीक वर्स १ एप्रिल सावन सुरू करपाचो इतिहासीक निर्णय शिक्षण खात्यान घेतला. यत्ता सवी ते धावी आनी बारावेचे वर्ग एप्रिलांत सकाळीं ११.३० वरां मेरेन चलतले. १ मे ते ३ जून मेरेन गिमाळी सुटी आसतली. उपरांत ४ जून सावन आदले वरीं वर्ग सुरू जातले. शिक्षण संचालकान हे विशींचें परिपत्रक जारी केलां. नव्या राष्ट्रीय शिक्षण धोरणा प्रमाण सप्तकाक शिकोवपाचीं ३६ ते ३९ वरां जावप गरजेचीं. हीं वरां भरून येवपाक एक तर शिक्षणीक दीस वाडोवचे पडटले वा शाळा/ विद्यालयांचो वेळ वाडोवचो पडटलो. शिकोवपाचीं वरां भरून काडपाक एप्रिलांत वर्ग घेवपाचो निर्णय जाला, अशी म्हायती सुत्रांनी दिली. अंदूं णववे खातीर राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाची कार्यवाही सुरू जाल्या. येवपी शैक्षणीक वर्सा सवी आनी धावे खातीर एनईपी लागू जातलें.धावेचो निकाल लागता म्हणसर यत्ता इकरावेचे प्रवेश प्रक्रियेक उशीर जाता. हाका लागून इकरावेचें शिक्षणीक वर्स ह्या वर्सा जुनातूच सुरू करपाचो सरकारान निर्णय घेतला. मजगती, कांय समाजसेवकांनी ह्या निर्णयाक विरोध केला.